# तिस-या मांडवी पूलाच्या बांदकामाखातीर येरादारी वेवस्था

ता. 10 एप्रिल 2017
20 चैत्र 1939

मांडवी न्हयचेर तिस-या पूलाचे बांदकाम चालू आशिल्ल्यान उत्तर गोंय जिल्हाधिका-यान तात्पुरत्या येरादारी वेवस्थेचो आदेश दिला. ही तात्पुरती येरादारी वेवस्था सकाळी 8.00 ते रातची 10.00 हया वेळेखातीर लागू आसतली. हया वेळेत सगळी अवजड, मध्यम वेवसायिक म्हाल येरादारीची वाहना करासवाडा जंक्शन आनी बाणस्तारी जंक्शनाकडेन वळून अस्नोडा-दिवचल मार्गान आपल्या फुडल्या थळाकडेन वतली. जर निर्बंधित वेळेत बेगीन इबाडपी वा अत्यावश्यक म्हाल येरादारी करपी अवजड, मध्यम म्हाल येरादारी वाहनाक करासवाडा आनी बाणस्तारी जंक्शनासावन फुडें वचपाचे आसत जाल्यार अशा वाहनांनी येरादारी मुख्यालय, आल्तिन-पणजी हांगाच्यान लेखी परवानगी घेवपाक जाय आनी ती वाहनांचेर चिकटोवपाक जाय, अशाच वाहनाक फुडें वचपाक दितले. आंतरराज्य मार्गावयल्या बसगाडयाक सकाळी 8.00 उपरांत करासवाडावटेच्यान हॉटेल ग्रीन पार्क जंक्शन क्रॉस करपाक मेळचे ना आनी तांणी म्हापसा मेरेनच आपली येरादारी थांबोवची पडटली.

ही येरादारीची वेवस्था काम पूर्ण जाय मेरेन लागू उरतली.